**Panaji Regional**
**3rd August 2025 7.25am**

PM - 190

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी काल उत्तर प्रदेशातल्या वाराणसीत देशभरातल्या 9 कोटी सत्तर लाख मायज शेतक-यांच्या खात्यात पीएम-किसान सन्मान निधी योजनेअंतर्गत 20व्या हप्त्याची 20,500 कोटी मायज रक्कम हस्तांतरित केली. या कार्यावळीचे थेट प्रसारण देशभरात केले.

गोयांतूय साखळे रवींद्र भवनात मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या उपस्थितीत या कार्यावळीचे थेट प्रसारण जाले. या कार्यावळीत राज्यातल्या वेगवेगळ्या भागातले पीएम-किसान सन्मान निधी येवजनेचे लाभार्थी शेतकरी मोठ्या संख्येन सहभागी जाल्ले. प्रधानमंत्री मोदी शेतकारांच्या प्रति खूब संवेदनशील आसात, अशें मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हाणी ह्या वेळार उलयतना सांगले. पीएम-किसान सम्मान निधी येवजणे खाला प्रत्येक शेतकाऱ्याक 2000 रूपया याप्रमाणे वरसात तीन हप्त्यांचे एकुण स हजार रुपया थेट खात्यात हस्तांतरित जातात, अशा प्रकारची ही शेतकारांक अर्थीक लाव दिवपी येवजण आसा अशें मुख्यमंत्र्यांनी सांगलें. गोंयतल्या सुमार साडे स हजार शेतकारांच्या बँक खात्यांत आतां मेरेन 20 हप्त्यांची एकूण 24 कोटीची रक्कम जमा जाल्यात अशें सावंत हाणी मुखार सांगले.

शेती आणि शेतक-यांच्या सक्षमीकरणाखातीर गोय राज्य सरकारच्या वतीन वेग वेगळ्यो येवजण्यो तालुका आणि गांव पातळेचेर चालिक लायतात. विकसीत भारत @47 आनी विकसीत गोंय @37 हें ध्येय साध्य करपा खातीर तुमी सगळ्यांनि सहकार्य करचें अशें आवाहन मुख्यमंत्र्यानि हाजीर आशिल्ल्यांक केलें. ह्या संधर्भात सुर्लाचो आदलो सरपंच संजय सुरलकार हाणी आपली प्रतिक्रिया उक्त्यातना म्हळें.

पंचायत पोटवेंचणूक - 70

पेडण्या तालुक्यातल्या हरमल ग्राम पंचायत प्रभाग क्रमांक 4 आणि फोंडया तालुक्यातल्या दुर्भाट ग्राम पंचायत प्रभाग क्रमांक 2 खातीर काल पोटवेंचणूक जाली. सकाळी 8.00 ते सांजे 5.00 मेरेन मतदान जाले. ग्राम पंचायत हरमलच्या प्रभाग क्रमांक 4 खातीर दोन उमेदवार वेंचणूक रिंगणात आशिल्ले आणि फोंडयाच्या दुर्भाट ग्राम पंचायत प्रभाग क्रमांक 2 खातीर तीन उमेदवार वेंचणूक रिंगणात आशिल्ले. पुराय मतदान प्रक्रिया शांततयेन पार पडली. मतमेजणी फाल्या सोमारा सकाळी आठ वरा सावन सुरु जातली.

९ वेची सत्र १ आनी सत्र २ परीक्षांचे - 115

२०२५ - २६ वर्सा खातीर यत्ता ९ वेची सत्र १ आनी सत्र २ परीक्षांचे वेळापत्रक जाहिर जालां. राज्यांत राष्ट्रीय शिक्षण धोरण लागू आशिल्ल्यान आता यत्ता णवेच्यो परीक्षा गोंय माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शिक्षण मंडळ आयोजित करता. सत्र १ परीक्षा २३ सप्टेंबर २०२५ जाल्यार सत्र २ परीक्षा २२ फेब्रुवारी २०२६ ह्या दिसा

सुरू जातली. सत्र १ परीक्षा फुडल्या म्हयन्याच्या २३ तारकेक सुरू जावन १ ऑक्टोबराक सोंपतली. ह्या परीक्षेची वेगळी आसन वेवस्था आसची ना. दरेका शाळेंत ह्यो परीक्षा जातल्यो. गोंयभरातल्या ३१ केंद्रानी पेपरा दिसा सकाळी प्रश्नपत्रिकांचे वितरण जातलें. राज्य पांवड्यार वा ताच्या वयल्या पांवड्यार खेळपी विद्यार्थ्याची परीक्षा बुडची न्हंय म्हूण अशा विद्यार्थ्यां खातीर पुरवणी परीक्षा घेतले अशें गोवा बोर्डाचे सचीव विद्यादत्त नाईक हांणी सांगलां.

**रुमडामळ-दवर्ली - 70**

साश्ट तालुक्यात आस्पावपी रुमडामळ-दवर्ली पंचायत तशेच नावेली पंचायत ह्या दोन पंचायतींची रिती जाल्ली पदां भरुन काडपाखातीर सा ेमार ४ ऑगस्ट दिसा वेंचणूक बसका जावपाची आसा.रुमडामळ - दवर्ली ह्या पंचायतीच्या सरपंच आनी उपसरपंच ह्या दोगांनी आपल्या पदाचो राजिनामो दिल्ल्यान ती भरपाखातीर सोमारा वेंचणूक जातली. सध्या ह्या पंचायतीचो ताबो भाग उदरगत अधिकाऱ्याच्या कार्यालयान नेमिल्ल्या प्रशासकाकडेन आसा. नावेली पंचायतीच्या सरपंचान आपल्या पदाचो राजिनामो दिल्ल्यान हेय पद रिकामे आसा. हे पदय सोमारा जावपी बसकेत भरुन काडटले.

Weather – 40

गोय वेधशाळे प्रमाण फाटल्या २४ वरांत राज्यांत नैऋत्य मॉन्सून दुबळो आशिल्लो. राज्यात चडशा सुवातींनी सामको हलको ते हलको पावस पडलो. गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान 31 degrees celcius आनी उण्यात उणे तापमान 2५ degrees celcius इतले आसतले.

Sports – 20

ग्रीसांत 17 वर्सां सकयल्या संवसारीक कुस्ती सर्तींत भारतीय कुस्तीगीर लायकीन दादल्यांच्या 110 किलो फ्रीस्टाइलांत रुप्या पदक मेळयलां.